Akashvani Panaji National Bulletin 23 April 2025

जम्मू-काश्मीरांत काल पहलगामांत जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्यांत जायत्या पर्यटकांक मरण आयिल्ल्यान काश्मीर देगणांतल्यान सुरक्षा कितलेशेच पटींनी वाडयल्या. दक्षिण काश्मीरांतल्या अनंतनाग जिल्हयांतल्या श्रीनगरासावन सुमार पंच्चय्शी किलोमीटर अंतराचेर हो हल्लो जाल्लो . लश्करी, सीआरपीएफ, आनी जम्मू-कठे पुलीस हांची संयुक्त कंधी कारवाय ह्या वाठारांत चालू आसा. पहलगामांत हल्लो जाल्ल्या सुवातेर सावन 5 किलोमीटर त्रिज्यांत ही कारवाय वाडयल्या. हल्लेखोरांचो सोद घेवपा खातीर खाशेले दळ, तंत्रीक गुप्तचर तैनात केल्यांत.म्हामार्गांचेर आनी संवेदनशील वाठारांनी अतिरिक्त तपासणी केंद्रां स्थापन केल्यात आनी मुखेल प्रतिष्ठापनां आनी पर्यटन हॉटस्पॉटां लागसार प्रतिक्रिया पंगड स्थापन केल्यात. उत्तर लश्करी सेनापती लेफ्टनंट जनरल एमव्ही सुचेंद्र कुमार हांकां आयज श्रीनगरांतल्या थळाव्या फॉर्मेशन कमांडरांनी देगणांतल्या सध्याच्या सुरक्षा परिस्थिती विशीं म्हायती दितले. श्रीनगर, आनी गुलमार्ग आनी सोनामार्ग सारक्या हेर पर्यटन थळांनी फ्रिस्किंग कार्यावळी चड खर केल्यात. पर्यटक रावतात त्या ल्हान, मध्यम आनी व्हड हॉटेलां भोंवतणी सुरक्षा वाडयल्या, जाका लागून कसलीच संभाव्य घडणूक घडची न्हय. वसंत ऋतूंतल्या प्रवासाच्या हंगामाच्या चडांत चड वेळार पर्यटकांक लक्ष्य करून केल्ल्या हल्ल्याक लागून गंभीर हुस्को निर्माण जाला. सोडवणूक आनी वळख करपाचे यत्न चालू आशिल्ल्यान मरण आयिल्ल्यांचो निमाणो आंकडो तयार करपाचें काम सुरू आसा अशें सुरक्षा वरिश्ठ सूत्रांनी सांगलें. जम्मू-कठे सरकारान श्रीनगर आनी अनंतनागांतल्या पर्यटकांक रातभर आपत्कालीन मदत डेस्क स्थापन केलां.

---

मुस्लिम वर्ल्ड लीगचे सरचिटणीस शेखमहंमद बिन अब्दुलकरीम अल इस्सा हांणी जेद्दाहांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी कडेन संपर्क सादलो. जम्मू-काश्मीरांतल्या भिरांकूळ आतंकवादी हल्ल्याचो तांणी खर निशेध केलो आनी निरपराधी जिवांक खोलायेन  उक्तायलें. प्रधन्मंत्रि मोदी हांणी जुलय 2023 वर्सा नवी दिल्लींत महासचिवा कडेन जाल्ले बसकेचो उगडास केलो. सहिश्णु मुल्यांचो प्रसार करपाक, संयमाचो पुरस्कार करपाक आनी समाजीक एकचार आनी समरसताय मुखार व्हरपाक मुस्लिम वर्ल्ड लीगची भुमिकेचे ताणें तोखणाय केली. अतिरेकी,

आतंकवाद आनी हिंसाचार हांचे आड मुस्लिम वर्ल्ड लीग संघटनेची महत्वचि भुमिकेचय  प्रधानमंत्र्यान तोखणाय केली. भारतांतलें वसुधैव कुतुंबकम ह्या युगपुर्वी तत्वगिन्यानाचो उगडास करूनप्रधन्मंत्रि मोदी हनि  भारत हो बहुसंस्कृतीक, बहुभाशीक, बहुवंशीक आनी बहुधर्मीय समाज म्हूण, विविधतायेंतल्या एकचाराची परब मनयता अशें नदरेक हाडलें. भारताची अविश्वसनीय विविधताय ही एक मोलादीक बळगें आसून तनि ताच्या जिवंत समाजाक आनी राजकारणाक आकार दिला.

---

एक घटमूट आनी आत्मनिर्भर भारत उबारपाक राष्ट्राच्या तरणाट्यांक सक्रीय भागधारक जावपाचो उलो लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हानि मार्ला . तानी तरणाट्यांक राष्ट्र निर्मिती, नवनिर्माण आनी जागतीक फुडारपणांत सक्रियपणान वांटो घेवंक आनी देशाच्या वाडींत योगदान दिवपाक उलो मारला.ते जालंधर लागसार लव्हली प्रोफेशनल युनिव्हर्सिटींत ताच्या वर्सुकी सांस्कृतीक महोत्सवांत आनी अभ्यास अनुदान पुरस्कारांत मुखेल सोयरे म्हूण आशिल्ले. तांणी, विक्सित भारत-2047 चा कल्पनेत अर्थीक वाड, समाजीक समता, जागतीक फुडारपण आनी टिकावूपण हांचो आस्पाव आसा. सगळ्या मळार उत्कृश्ट कामगिरी करपी तरणाटे लोकसंख्ये खातीर आयज भारताक संवसारीक पांवड्यार मान्यताय मेळटा असो उल्लेख तानि केलो. संसदेचे वांगडी अशोक मित्तलय ह्या वेळार हाजीर आशिल्ले.

---

पहलगामांत पर्यटकांचेर जाल्ल्या वायट आतंकवादी हल्ल्या उपरांत केंद्रीय घरमंत्री  अमित शाहा हनि श्रीनगरांत वरिश्ठ अधिकाऱ्यां कडेन उंचेल्या पांवड्यावेली नियाळ बसका घेतली. आयज घरमंत्री उपराज्यपाल मनोज सिन्हा वांगडा आतंकवादी हल्लो जाल्ल्या सुवातेर भेट दिवपाचे आसात. तशेंच तो प्रत्यक्ष दर्शी कडेन संवाद सादतले आनी जखमींचेर उपचार करतात त्या हॉस्पिटलांक भेट दितले.

---

जम्मू-काश्मीरांतल्या पहलगाम हांगा जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्या उपरांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हनि साउदी अरेबियाची राज्य भेट अर्ध्वत सोदुन 23 एप्रीलाक भारतांत परत अय्ले. मुळांतूच प्रधानमंत्री आज रातीं परत येतले अशी अपेक्षा आशिल्ली. , ही भोंवडी उणी जाल्ली आसून लेगीत प्रधानमंत्र्याच्या साउदी अरेबिया राज्याक केल्ले भेटीचे जायते मुखेल परिणाम जाले. दोनूय फुडाऱ्यांनी

सहकार्याच्या पुराय वर्णपटाचेर नियाळ घेतलो, तातूंत उर्जा, संरक्षण, वेपार, गुंतवणूक, तंत्रगिन्यान, संस्कृताय आनी लोकां मदीं आदान-प्रदान हांचो आस्पाव जाता. भारत-मध्य उदेंत-युरोप अर्थीक मार्गाचेर प्रगती विशींय चर्चा जाली, दोनूय वटांनी ह्या उपक्रमाचेर कामाक गती दिवपाची आपली कय्क्शींम्तय आनी वचनबद्धताय दखय्ली. द्विपक्षीय वावरांत अंतरिक्ष, भलायकी आनी अँटी डोपिंग ह्या मळार सयत चार म्हत्वाचे कबलाती जाल्यो. ह्या भेटीचो एक म्हत्वाचो परिणाम म्हळ्यार रणनिती भागीदारी मंडळाचो दोन समित्यां वयल्यान चार समित्यांचो विस्तार जावन द्विपक्षीय संबंदांची खोलाय स्पश्ट जाली. गुंतवणूक करपा विशींच्या संयुक्त उच्च पांवड्यावेल्या कार्यदळान केल्ल्या प्रगतीचोय दोनूय फुडाऱ्यांनी नियाळ केलो. साउदी अरेबियान भारतांतल्या उर्जा, पेट्रोकेमिकल, मुळावी बांदावळ, तंत्रगिन्यान आनी फिनटेक ह्या सारक्या विंगड विंगड क्षेत्रांनी गुंतवणूक करपाची इत्सा उक्तायल्या. तशेंच राज्यांत रावपी 27 लाख भारतीय प्रवासी लोकांक दिल्ल्या आदाराक लागून प्रधानमंत्री मोदी हांणी क्राउन प्रिन्स मोहम्मद बिन सलमान हांचीय तोखणाय केली.

---

राष्ट्रप्ति द्रौपदी मुर्मू, उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी पहलगामांत पर्यटकांचेर जाल्ल्या आतंकवादी हल्ल्याचो निशेध केला. राष्ट्रपती हांणी , ही एक अमानवीय कृती आसा, जाचो निर्विवादपणान निशेध करचो पडटलो अशे संग्ले. निरपराधी नागरिकांचेर हल्लो करप हें भयानक आस अशे तानि मुखर सांगलें. तानि कुटुंबांक दुख्ख उक्तायलें आनी जखमीं बेगीन बरे जावचें अशी प्रार्थना केली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत, उप्रश्त्रप्ति धंखर हाँनि हिंसाचाराचीं कृत्यां भयनक आसात आनी अम्चो खर निशेध आस अशें तानि म्हणलां.

प्रधानमंत्री मोदी हांणी म्हणलें कि, ह्या कृती फाटल्यान आशिल्ल्यांक वाचवचे नात आनी तांकां न्यायालयांत व्हर्तले. दुकेस्त मरन ऐल्ल्या लोकांचेर तनि दुक्ख उक्तायलें आनी जखमींक बेगीन बरे जावचे अशें मागणें तनि केलें. बाधितांक शक्य तितली मजत दितात अशें प्रधन्मंत्रि मोदी हांणी सांगलें. जम्मू-काश्मीराचे उपराज्यपाल मनोज सिन्हा आनी मुखेल्मंत्रि उमर अब्दुल्ला आनी पक्षाच्या वळीं वयल्या फुडाऱ्यांनी ह्या आतंकवादी हल्ल्याचो खर निशेध केला. केंद्रीय मंत्री आनी भाजपा अध्यक्ष जगत प्रकाश नड्डा हांणी नरेंद्र मोदी सरकार

आतंकवादाचेर शून्य सहिश्णुताय धोरण पाळटा आनी ह्या घृणास्पद कृत्यांत वांटो घेवपी लोकांक सोद्चे
नात अशें आश्वसन तानि दिला. तांणी म्हणलें संरक्षण मंत्री राजांत सिंग हनि सांगलें कि, निरपराधी नागरीकांचेर केल्लो हल्लो ही कायरपणाची आनी क्रुरपनचि गजाल आसा. मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणीय ह्या हल्ल्याचो निशेध करून मरन ऐल्ल्य लोकंचा कुटुंबांचेर दुख्ख उक्तायलें. बिहाराचे मुख्यमंत्री नीतीश कुमार, केंद्रीय मंत्री आनी लोजपा मुखेल चिराग पासवान, काँग्रेस अध्यक्ष मल्लिकार्जुन खर्गे, विरोधी पक्ष फुडारी राहुल गांधी, अस्तंत बंगालचे मुख्यमंत्री ममता बॅनर्जी आनी समाजवादी पक्षाचे मुखेल अखिलेश यादव हांणीय हे घडणुकेचो निशेध केला.

---

आमचो सैम आनी पर्यावरण सांबाळपा खातीर गरजेचो आनी तातडीचो उपाय म्हूण महाराष्ट्राचे पर्यावरण मंत्री पंकजा मुंडे हांणी लोकांचो सहभाग घेवपाचो उलो मारला. संवसारीक धर्तरे दिसा निमतान मंगळारा जाल्ल्या पोवाई तळ्याची निवळसाण मोहिमेच्या अनवरन कार्यावळींत त्यो उलयताल्यो

---

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत काल राती जाल्ल्या खेळात दिल्ली कॅपिटल्स पंगडान लखनौ सुपर जायंट्स पंगडाक ८ गड्यानी हारयले.